19 Feb 2026 7.20pm

60 AI समिटात

नवी दिल्लींत जाल्ले भारत एआय इम्पॅक्ट समिट-2026 मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी म्हायती तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी वाटो घेतलो.शाश्वत उदरगत करतना गौंयात एआयच्या तंत्रगिन्यानाचो समग्र पद्दतीन आत्मसात आनी उपेग करपाची मोख गोंय सरकारान दवरला अशे मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.जाल्यार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी बुधवारा AI समिटात वाटो घेतलो.ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान सेलेस्ता कॅपिटलाचे संस्थापक वेवस्थापकीय भागीदार श्रीराम विश्वनाथन जी हांचे कडेन मेळ्ळे आनी संवाद सादलो.

कुशावती समिती

नव्यानूच स्थापन जाल्या कुशावती ह्या तिसऱ्या जिल्ह्यातले राना हक्क दावे निकालात काडपा खातीर सरकारान खासा समिती स्थापन केल्या. कुशावती जिल्ह्याच्यो जिल्होधिकारी एग्ना क्लेटस हांचे फुडारपणा खाला ही समिती स्थापन जाल्या. राना उपसंरक्षक, मोहन गावकार , अंजली वेळीप, राजश्री गावकार, आदिवासी कल्याण खात्याचे साहाय्यक संचालक हे समितीचे हेर वांगडी आसा.ग्रामसभा वा राना हक्क समितीक नेम 6 प्रमाण आवश्यक ती म्हायती दिवप. कायद्याचो हेत मतीत घेवन आदिवासी समाज आनी हेरांच्या दाव्यांचो विचार करप, हेर जिल्हो समितीकडेन समन्वय सादप अशो जापसालदाऱ्यो हे समितीक दिल्या. पुराय राज्यांत आता 6 हजारावेर राना हक्क दावे प्रलंबित आसा. ह्या दाव्यांची आता तीन जिल्ह्यात विभागणी जातली.

दिगंबर कामत

मडगाव : भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी सासश्टी तालुक्यांतली सगळ्यांत म्हत्वाची न्हंय आशिल्ल्या साळ न्हंयेक आदले वैभव परतून मेळोवपा खातीर सोबीतीकरणाचे काम बेगीन सुरू करतले आनी ताचे खातीर सविस्तर प्रकल्प अहवाल तयार केला अशी म्हायती दिली.आयज कामत हांणी खारेबांध प्रभागात साडे बारा लाख रुपया खर्च करून सोबीतकाय करपाचें काम हातांत घेतला. कामत हाणी आज

ह्या कामाची पळवणी केली. ह्या वेळार थळावे नगरसेवक महेश आमोणकार हेय हाजीर आसले.ह्या वेळार उलयतना कामत हांणी सांगलें, साळ न्हंय वाठार सोबीत करपा खातीर प्रकल्पाचो अहवाल बेगीनूच सरकारा कडेन सादर करतले. हे येवजणेक मान्यताय मेळ्ळ्या उपरांत फुडले काम सुरू जातले अशें तांणी सांगलें.कांय लोक हे न्हयेत  कोयर उडयतात म्हणून साळ न्हंय प्रदुशीत जाल्या. अशे तरेची गजाल आडावपा खातीर न्हंयचे दोनूय वटांनी जाळी लायतले अशें तांणी सांगलें.

<u>छात्रपती शिवाजी महाराज जयंती</u>

फार्मागुडी, फोंडा हांगा छात्रपती शिवाजी महाराज जयंतीच्या निमतान आयोजित राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळींत वीज मंत्री सुधीन ढवळीकर हे  सहभागी जावन शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्याक आर्गा ओपली.फार्मागुडी किल्ल्याच्या आवारांत सकाळीं छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या  पुतळयाचेर तानी माळ घाली. ह्या वेळार , प्रमुख वक्ते कृष्णाजी कुलकर्णी, फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष वीरेंद्र ढवळीकर, नगरसेवक रितेश नाईक आनंद , बांदोडा ग्रामपंचायत सरपंच सुखानंद कृपासकर, उपसरपंच चित्रा फडते,म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री दिपक बांदेकर, आणि हेर मानेस्त हाजिर आशील्ले.फार्मागुडी फोंडा हांगाच्या श्री गणपती देवळाच्या आवारांत जालल्या मुखेल कार्यावळीत उलयतना वीज मंत्री सुधीन ढवळीकर हानी शिवाजी महाराजांचे प्रशासन स्वराज्य आणि सुराज्य हाचेर आधारित आशील्ले अशे सांगले.  आज प्रत्येक युवकांन महाराजांचे गुण आत्मसात केल्यार युवकांचा फुढार आणि जीण बरी जातली अशे तानी मुखार उलयतना सांगले. फर्मागुडी हांगाचो  शिवाजी किल्लयाचे काम वर्षभरात पुराय करतले अशे सांगले.ह्या वेळार कृष्णाजी कुलकर्णी हाणी महाराजाच्या जीविताचे प्रसंगाचेर उलवप केले.ही वर्सुकी कार्यावळ म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान घडोवन हाडील्ली. छात्रपती शिवाजी महाराज जयंतीच्या निमतान राज्यभरांतय वेगवेगळे कार्यावळी जातल्यो.दीसभर चलपी ही कार्यावळीत   ढोल ताशा पथक मंडळान सादरीकरण केले आनी  उपरांत  भुरग्यांचे पोवाडांचें सादरीकरण जाले.उपरांत वीज मंत्री सुधीन ढवळीकर हाणि फार्मागुडी हांगा गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त दयानंद बांदोडकार हांच्या पुतळ्याक फुलांची माळ घाली आनी हेर मानेस्तानी फुलांचीं पाकळ्यो अर्पण केल्यो. कार्यक्रमाचे प्रास्ताविक पत्रकार नरेंद्र तारी हाणी तर सूत्रसंचालन गिरीश वेळगेकर हाणी केले

छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या 352व्या शिवजयंती वर्साच्या निमतान शिवजयंती उत्सव आयज गोंयांत जातले. गोंय सरकाराच्या पर्यटन खात्यान ह्या प्रसंगाची याद करून पोरवोरीम हांगा एक खाशेली कार्यावळ घडोवन हाडल्या.आयएचएम, पोरवोरीम लागसार छत्रपती शिवाजी महाराज चौक हांगा 19 फेब्रुवारीक सकाळीं 9:30 वरांचेर सुरू जातली.ह्या कार्यावळीची सुरवात पुतळ्याक माळ घालून उपरांत सांस्कृतीक दायज दाखोवपी पारंपारीक धोल ताशा सादरीकरण जातलें. सालिगांवचे आमदार आनी जीटीडीसीचे अध्यक्ष केदार जेमुखेल सोयरो म्हूण ह्या कार्यावळीक हाजीर रावपाचे,छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या दायजाक आनी फुडारपणाक श्रद्धांजली दिवन पर्यटन खातें आनी थळाव्या पंचायतींतले जायते मानेस्त, भौशीक प्रतिनिधी आनी अधिकारी वांटो घेवपाची अपेक्षा आसा.

शिवजयंती निमतान आज दक्षिण गोय आनी कुशावती जिल्ह्यांत वेगवेगळ्या सुवातांनी कार्यावळी आणि मिरवणुको जाल्यो .मडगाव शारांत शिव साम्राज्य हे संघटनेन ह्या निमतान भव्य अशी मिरवणूक काडिल्ली आसून सध्या ती चालू आसा.सांगे बाजारात शिव जयंतीचो उत्सव चालू आसून ह्या निमतान शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्याचे उक्तवण जाले. कुडचडे वाठारांत मिरवणूक सध्या चालू आसा. काणकोण तालुक्यातय ह्या निमतान कार्यावळ जाली.

180 गोवा चेंबर

राज्यांतल्या एमएसएमई वाठारांतल्या उद्देगांक उर्बा दिवप तशेंच तांकां मार्गदर्शन करपा खातीर गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री वतीन एमएसएमई आधार स्तंभ विभागाची स्थापना जातली. ह्या विभागाचें उक्तावण ५ मार्चाक उद्देगमंत्री मॉविन गुदिन्हो हांचे हस्तुकीं जातलें. संघटणेची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हांणी बिरेस्तारा जाल्ले पत्रकार परिशदेत ही म्हायती दिली. ह्या वेळार मांगिरीश पै रायकार, आशुतोष खरंगटे आनी किरण बाळ्ळीकार हाजीर आशिल्ले. उद्देग मळार एमएसएमईचो वाटो व्हड आसा. एमएसएमई अर्थवेवस्थाय चालीक लायता. ह्या मळावेल्या उद्देगांक मार्गदर्शन करप, तांका नव्या म्हायतीची पुरवण करप, सल्लो दिवप, तांक उदरगत अश्या खुबश्या कामां खातीर हो विभाग सुरू करतले. एमएसएमई तशें नव्या उद्देजकांक घटमूट करून वेवसाय वृद्धी करपा खातीर हो विभाग मजत करतलो. शाश्वत स्टार्ट अप, रोजगार निर्मिती चालीक लावपाचें काम विभाग करतलो. मांगीरीश पै रायकार हे या

विभागाचे अध्यक्ष आसतलें. विभागा वतीन वर्सभर विवीध कार्यावळींचें आयोजन जातलें. गोंयाक फुडाराक तयार आशिल्ल्या उद्देगां खातीर एक केंद्र म्हूण स्थापन करप. जीसीसीआय एमएसएमईंक व्हड प्रमाणांत वांटो घेवपाचें आवाहन केला. ह्या उपक्रमात वाटो घेवपाखातीर gcci च्या संकेतस्थळाचेर भेट दीवन वाटेकार जावचे अशे आवाहन प्रतिमा धोंड हिणे केला.